# फोंडेचो गोंय क्रांती दीस कार्यक्रम

ता. 18 जून 2018
28 जेष्ठ 1940.

गोंयच्या मुक्तीखातीर स्वातंत्र्य सैनिकांनी केल्लो त्याग खूप मोठो आसा. आयज आमी तांच्या त्यागाक लागून स्वातंत्र्याची फळां चाखतात. तांच्या त्यागाचो आमी सदाच उगडास दवरपाक जाय, अशें भौशिक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ढवळीकर हांणी आयज फोंडेच्या क्रांती मैदानावयल्या क्रांती दीस कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

खासदार श्री. नरेंद्र सावयकार, आदले मुख्यमंत्री श्री. रवी नाईक, अतिरीक्त जिल्होधिकारी श्री. दामोदर मोरजकर, पुलीस उपअधिक्षक श्री. महेश गावकर, सैनिक प्रशिक्षण केंद्राचे कमांडर मेजर दिक्षा, फोंडेचे नगराध्यक्ष, नगरसेवक, मामलेदार, हेर अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक, विद्यार्थी आनी नागरीक कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

श्री. ढवळीकर हांणी फुडे म्हणले, मुक्तीउपरांत गोंय राज्यान सगळया मळाचेर उत्कृश्ट प्रगती केली. गोंयचे पयले मुख्यमंत्री सर्गेस्त भाऊसाहेब बांदोडकर हांणी राज्यात शिक्षणाची मजबूत बुन्याद घातली. आयज आमी मुखेल वेवसाय आशिल्ल्या शेती धंद्याकडेन वळपाची गरज आया, अशेंय तांणी सांगले.

सुरवेक मानेस्तांनी हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपली. श्री. ढवळीकर हांणी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या नावाच्या ताम्रपत्राचे अनावरण केले. तशेंच स्वातंत्र्य सैनिक श्री. श्रीधर वेरेकर हांच्या ‘‘हांव’’ पुस्तकाचे विमोचन केले.

फोंडा स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे सचिव श्री. रोहिदास नाईक हांणीय हयावेळार विचार मांडले. श्री. गिरीष वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले. विद्यार्थ्यांनी सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर केले.